केंद्रीय राज्यमंत्र्या कडल्यान राज्य आनी केंद्रीय येवजण्यांचो नियाळ

पणजीः ता. १६ ऑक्टोंबर २०१८
आश्विन २४, १९४०

केंद्रीय आदिवासी वेव्हार राज्यमंत्री श्री. जसवंतसिंह भाभोर हांणी आयज संस्कृती भवन पाटो हांगा गोंयचे आदिवासी कल्याण मंत्री श्री. गोविंद गावडे हांच्या वांगडा आयोजीत केल्या बसकेंत केंद्र सरकार आनी राज्य सरकारमार्फत आदिवासी लोकांच्या कल्याणा खातीर राबोवपाक येवपी वेगवेगळ्या येवजण्याचो नियाळ घेतलो.बसकेक केंद्रीय मंत्र्याचे खासगी सचीव श्री. एम दिलीप कुमार, पालवी खासगी सचीव श्री. एल. राघवेंद्रम, गोंय सरकारच्या आदिवासी कल्याण खात्याचे सचीव श्री. दौलत हवालदार, संचालक श्री. वेनान्सियो फुर्तादा आनी उप संचालक श्री. दिपेश प्रियोळकार हजर आशिल्ले. बसके उपरांत श्री. भाभोर आनी श्री. गावडे हांणी बेतकी-खांडोळा ग्रामपंचायतीतल्या आदिवासी समाजाची लोक वस्ती आशिल्ल्या वाठारांत भेट दिली. केंद्रीय मंत्र्यान बेतकी-खांडोळा वाठारांतल्या वेगवेगळ्या रस्त्याची सुदारणा आनी हॉटमिक्स कामाचीय सूरवात केली.

मा/वाप/टीएसएस/विगां/माधा/बिंभ/२०१८/१६६४